# GOA STATE POLLUTION CONTROL BOARD
# गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ

(An ISO 9001-2008 Certified Board)

Phone Nos : 91-832-2438567, 2438528
2438563, 2438550

Tel / Fax No. : 0832-2438528

Email id's :
Member Secretary, GSPCB - ms-gspcb.goa@nic.in
Environment Engineer, GSPCB - ee-gspcb.goa@nic.in
Scientist, GSPCB - scientist-gspcb.goa@nic.in
Asst. Env Engineer, GSPCB - aee-gspcb.goa@nic.in
Asst. Law Officer, GSPCB - alo-gspcb.goa@nic.in


**BY SPEED POST**

No.11/15/17-PCB legal. /16003

Date:- 20/11/2017

To,
The Regional Officer,
Ministry of Environment, Forests
and Climate Change, Southern Zone,
4th Floor, E and F Wing,
17th Main Road, 2nd Block,
Kormangala, Bangalore 560034.

Sub:- Environmental Public Hearing.

Sir,

As per the Environment Impact Assessment Notification (EIA) dated 14/09/2006, issued by the Ministry of Environment, Forests and Climate Change, Government of India, the Goa State Pollution Control Board has conducted Environmental Public Hearing as per the said notification with respect to the **proposed project "Solid Waste Management Facility" at Cacora in South Goa held on 14/11/2017 from 10.30 am onwards at the** site proposed for Garbage treatment Plant – Cacora-Curchorem Goa (MSW dumpsite located at survey no. 167 and 168 of Cacora Village of Quepem Taluka in South Goa)

In this regard, I am to enclose herewith the following documents for your perusal and necessary action.

1. The copy of the dully approved proceedings of the Environmental Public Hearing held on **14/11/2017** reflecting the views and concerns expressedby the public present for the hearing recorded and read out to the public out on the same day, alongwith translation of the same in the official State Language i.e. Konkani – **Annexure "A"**

2. Attendance Sheet – **Annexure "B"**

3. The CD recordings of the proceedings – **Annexure "C"**

ISSUED 20/11/17

4. The copies of the notices issued in the various newspapers/T.V. Channels - **Annexure "D"**

Kindly acknowledged the receipt of the same.

**Yours faithfully,**

**(Member Secretary)**
**Goa State Pollution Control Board**

Encl: As above.

Copy to:-

| | |
|---|---|
| 1 | The Managing Director, Goa Waste Management Corporation, c/o. Hindustan Waste Treatment Pvt. Ltd., Opp. Saligao Seminary, Saligao Bardez Goa: for information |
| 2 | Legal file |
| 3 | Office copy |
| 4 | Guard file |

**14/11/2017 दिसा सकाळीं 10:30 वरांचेर प्रस्तावीत कोयर प्रक्रिया उद्देगाचें थळ, काकोडें, कुडचडें (एम.एस.डव्ल्यू.सायट, सर्वेक्षण क्र. 167 आनी 168, काकोडें गांव, केपें तालुको, दक्षिण गोंय जिल्लो) हांगा जाल्ले भौशीक सुनावणेचें इतिवृत्त**

**ही सुनावणी**

**दक्षिण गोंयांतल्या काकोडें हांगां प्रस्तावीत 'घन कोयर वेवस्थापन सुविधे खातीर' घडोवन हाडली.**

ही भौशीक सुनावणी 14/09/2006 (सुदारीत) चे सुदारीत प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडली. श्री. जॉन्सन फर्नांडीस, अतिरिक्त कलेक्टर II आनी अतिरिक्त दंडाधिकारी (दक्षिण) हांणी हे भौशीक सुनावणेक जमिल्ल्या लोकांक येवकार दिलो आनी प्रकल्प प्रस्तावकान आपलें सादरीकरण करतकीच जांकां कोणाक आपलीं मतां/हरकती/सुचोवण्यो मांडपाच्यो आसल्यार मांडपाची विनवणी केली. तांची नोंद करुन त्यो संबंदीत नियमन प्राधिकारिणी कडेन पर्यावरणी मान्यताये खातीरच्या अर्जाचेर प्रक्रिया करपा खातीर धाडटले, अशें तांणी सांगलें.

गोवा कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे वेवस्थापकी संचालक श्री. संजीत रोड्रिगीश हांणी पावर-पॉयंट सादरीकरण केलें. प्रकल्पाचे तपशील, ताची गरज, कोयराचें तंत्रगिन्यान आनी वेवस्थापन आदी हांचे विशीं तांणी कोंकणींतल्यान माहिती दिली.

ताचे उपरांत अध्यक्ष/अतिरिक्त कलेक्टरांनी ज्या कोणाक प्रस्तावीत प्रकल्पा विशीं मतां/हरकती मांडपाच्यो आसात तांकां आफयलें. तांची नोंद करुन त्यो प.रा.ह.ब. मंत्रालया कडेन प.प्र.त अधिसुचोवणे प्रमाण धाडटले, म्हणपाचें तांणी सांगलें.

ते प्रमाण सकयल दिल्ल्या व्यक्तींनी सकयल दिल्ले प्रमाण मुद्दे मांडल्यात/सुचोवण्यो दिल्यात:

1. **श्री. संजय देसाय, काकोडें**
    - दोन वर्सां पयलीं रवीन्द्र भवन, कुडचडें हांगा जाल्ले एके सुनावणे वेळार आपणें कोयराच्या विल्या संबंदी प्रस्न उपस्थीत केल्लो. प्रकल्पाचो खर्च कितलो, कॉन्ट्रेक्टराचें नांव कितें, कॉंट्रेक्टर पर्यावरणाची राखण कशी करतलो हांचे विशीं माहिती विचारली. प्रकल्पाचो तपशील आनी खर्च लोकांक सांगूंक जाय.
    - हिंदुस्थान कोयर वेवस्थापन उद्देग साळगांव हांगाचो प्रकल्प चलयता. हो प्रकल्प चलयतल्याचें नांव, प्रकल्पाचो खर्च कित्याक जाहीर करूंक ना?
    - ह्या प्रकल्पाचो आवर्ती खर्च कितलो आनी तो कोण फारीक करतलो?
    - आपूण ह्या प्रकल्पाक विरोध करी ना फकत हो उद्देग बेगीनांत बेगीन सुरू जावचो अशी आपली इत्सा आसा.

- कितली उर्जा निर्माण जातली आनी तिचो विलो/विक्री कशी करतले हाचे विशीं जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली. ह्या उद्देगांतल्यान निर्माण जाल्ले उर्जेक लागून कितलो महसूल मेळटलो?
- 10 वर्सां उपरांत हो उद्देग कोण चलयतलो आनी ताचें निरिक्षण कोण करतलो?
- ट्रकांनी कोयराची यरादारी करपाचे नदरेन फावो त्यो साधनसुविधा आसात?
- ह्या प्रकल्पांत पारदर्शकताय आसूंक जाय आनी माहिती वेबसायटीचेर घालूंक जाय.

**2. दत्तात्रय गोविंद प्रभुदेसाय, काकोडें**

- खंयचोय प्रकल्प सुरू जातकीच कांय प्रस्न उप्रासतलेच, पूण ह्या आडखळीं खातीर प्रकल्प बंद उडोवपाची गरज ना.
- फुडाराक ह्या प्रकल्पाक निधी-पुरवण कोण करतलो ? सरकार/लोक?
- जेन्ना आमच्या घराक रंग काडपाची गरज आसता, तेन्ना आमी पैशांचे नीब करून फाटीं सरनात, जाल्यार घराक रंग काडून नवेंताल्ल करतात, ह्या प्रकल्पांच्या बाबतींत, उद्देग साकार जातलो तेन्ना ताचे लाब घेवपाचे नदरेन आमी ही गजाल पयलींच मतींत धरूंक जाय, अशें उदाहरण दिलें.
- आमी जसो कोयर निर्माण करतात जाल्यार त्या कोयराचो विलो शास्त्रीय पद्दतीन लावप हें आमचें कर्तव्य जावन आसा.
- प्रस्नांच्यो जापो सोदून काडपाच्यो सोडून आमी तंत्रीक गजालींनी घुस्पूंक फावना.
- अशे तरेच्या प्रकल्पां खातीर लोकांनी वावरूंक जाय आनी तांकां तेंको दिवंक जाय.

**3. आशिष करमली, काकोडें**

- ह्या प्रकल्पाक आपणें तेंको दिला आनी तो आमच्या गांवांत सुरू जाल्लो आमकां जाय.
- आपणे साळगांवचो प्रकल्प पळयला. थंयचें तंत्रगिन्यान कुशळटायेन वापरलां, ट्रकांतल्यान वेगळावणी जावंक नाशिल्लो कोयर हाडल्यार लेगीत त्या कोयराचेर प्रक्रिया जातली.
- ह्या प्रकल्पांतल्यान निर्माण जाल्लें सारें शेतांक वापरूंक मेळटलें. त्याभायर बायोगॅस तयार जातलो.
- ह्या प्रकल्पांत पारदर्शकताय आसूंक जाय आनी दरेकल्याक प्रकल्पाचे तपशील खबर आसूंक जाय, हाचें कारण तो तांचो हक्क आसा.

- 2007 वर्सा तेन्नाचे आमदार श्री. श्याम सातार्डेकार हांणी कांय वॉर्डांनी घर-घर कोयर संकलन सुरू केल्लें, जें 2012 वर्सा श्री. निलेश काब्राल हांणी सकयल्ल्या पांवड्या मेरेन फुडें व्हेलें.
- आतां लोकां मर्दी सुसुत्रताय आयल्या. कुडचडेचे नागरीक सुसंस्कृत आसात, ते नितळसाणेन रावतात. ग्रामपंचायतींनी डस्टबिनां दवरल्यांत. दर दिसाक 30 ते 40 टन कोयर एकठांय जाता. शाराचो विस्तार जाता तसो कोयर निर्मणी/संकलन वाडटलें. देखून ह्या प्रकल्पाचे अंमलबजावणे खातीर आमी खंयच्याय राजकी सुवार्था बगर एकठांय येवन वावरूंक जाय.

**4. चंद्रकांत मळकर्णी, जेष्ठ नागरीक, काकोडें**

- हो प्रकल्प उबारपाक कसल्योच आडकाठ्यो हाडूंक फावनात.
- जेश्ठ नागरीक संघटनेचो अध्यक्ष ह्या नात्यान आपूण ह्या प्रकल्पाक तेंको दितां.
- जळामळा उडयल्ल्या कोयराचेर प्रक्रिया जावंक जाय आनी अशे तरेचे प्रकल्प सुरू जावप गरजचें. आपूण जेश्ठ नागरीक आसून लेगीत परिसर नितळ दवरपा खातीर वावुरतां.

**5. अनिल काकोडकार**

- प्रकल्प-थळा कडल्यान सुमार 500 मी. चेर आपलो वर्कशॉप आसा. कोयर सगळे कडेन उडयल्ल्यान हळशीक पातळटा आनी नाकतोंड धांपून भोंवचे पडटा.
- भोंवतणेच्या/शेजारच्या वाठारांनी विकास जाल्ल्या कारणान कोयराचें प्रमाण वाडतच वतलें, देखून हो प्रकल्प बेगिनांत बेगीन सुरू जावपाक जाय.
- येरादारीचे तपशील लोकांक उपलब्ध करपाक जाय.
- साळगांवचो प्रकल्प बरो आनी जैतीवंत आसा. तशे तरेचो प्रकल्प आसल्यार तो बेस बरे तरेन चलतलो.

**6. निलेश काब्राल, आमदार, कुडचडें मतदारसंघ**

- लोकांक कोयराक लागून भोवच त्रास जातात. हो प्रस्न सुटावो करपाक कोयर प्रक्रिया उद्देग सुरू करपाची सुचोवणी आपणें केल्ली. आपणें मुख्यमंत्री/सरकारी खातीं/नगरपालिका आदीं कडेन उलोवणीं केल्लीं.
- ही भौशीक सुनावणी कित्याक? तिचो उद्देश कितें? ती कशे तरेन जातली? आनी तिचीं कारणां कितें? हे विशीं लोकांक सांगूंक जाय आशिल्लें.
- एक नागरीक आनी आमदार-लोकांचो प्रतिनिधी ह्या नात्यान आपल्याक विस्तृत निवेदन करपाक परवानगी मागली.

- गरजेच्यो साधनसुविधा विकत्यो घेवन, 2007 वर्सा आमी घर-घर कोयर संकलन वेवस्था सुरू केली.
- आमकां कोयराच्या प्रस्नाक जाप सोदपाक जाय. नेमां प्रमाण कोयराची विभागणी लोकांनी स्रोताचेरच करप अनिवार्य आसलें, तरी ह्या उद्देगांत वेगळावंक नाशिल्ल्या कोयराचेर लेगीत प्रक्रिया जातली.
- ह्या प्रकल्पाची जी निविदा प्रक्रिया जातली ती वेबसायटीचेर/भौशीक मळांचेर भौसाचे माहिती खातीर घालची.
- हो उद्देग परिणामकारकतायेन चलपाचे नदरेन तंत्रज्ञान, तशेंच हो प्रकल्प बांदपी आनी चलोवपी कंपनी सोदून काडप गरजचें.
- कुडचडें शार इतल्या प्रमाणांत कोयर निर्माण करिना. पूण अशे तरेचे व्हड प्रकल्प येवंक जायनात जाल्यार कसले प्रकल्प जाय, ते लोकांनी सांगूंक जाय.
- भारतांतले जायते प्रकल्प काळा भायल्या तंत्रज्ञानाक लागून बंद पडल्यात, हाची आपणाक खबर आसा, पूण सद्याक साळगांवां चलपी प्रकल्पाचें तंत्रज्ञान बऱ्यांतलें बरें आसा.
- कोयर सातत्यान निर्माण जातलो, देखून प्रस्नाक उपाय सोदून काडप ही काळाची गरज आसा. अशे तरेचे उद्देग हेर भारतांत लेगीत येवंक लागल्यात.
- सुमार 150 कोटी रुपया खर्च करून सरकार लोकांचें हीत करूंक सोदता.
- सरकार हो प्रकल्प चलोवपा खातीर कंपनीक किला फाटल्यान 1.60 पैशे निधी पुरवण करता.
- जमनीचें मोल धरून पुराय प्रकल्पाचो खर्च रू. 400 कोटी आसतलो.
- अशे तरेचे पर्यावरण अनुकूल प्रकल्प निर्माण करून सरकार 'ग्रीन सेस'च्या रुपांत एकठांयल्ल्या पयश्यांची परतफेड करता.
- राज्यान विकती घेतिल्ले विजेच्या वांट्याक दरेका युनिटाक 2.40 पैशे हे प्रमाण वीज तयार जातली.
- केपें/सांगें/धारबांदोडें/काणकोण ह्या तालुक्यांतल्या कोयराचेर ह्या उद्देगांत प्रक्रिया जातली.
- हेर उद्देग वेर्णे/बायंगिणी हांगा सुरू जातले.
- कुडचडे मतदारसंघा भायल्यान कोयर हाडपी गाड्यो ह्या प्रकल्पांत हाडूंक जायनात. फकत घ.को.वे. महामंडळान प्राधिकृत केल्ल्यो 4 तालुक्यांतल्यो गाडयो सोडून हेर गाडयांक प्रवेश दिवंक फावना. स्थानीक संस्थांच्या वाहनांतल्यान हेर वाठारांतलो

कोयर भरून ह्या प्रकल्पांत हाडचे नात, हाची जबाबदारी गोवा कोयर वेवस्थापन महामंडळाची आसतली. ना जाल्यार कोयराची गळटी जावन गोंदळ निर्माण जातलो.

- उपस्थीत लोकांचे दुबाव पयस जाल्ले आसत आनी तांचो ह्या प्रकल्पाक तेंको आसत जाल्यार तांणी आपले दोनय हात वयर करचे, अशी विनवणी केली. ते प्रमाण चडश्या लोकांनी आपले हात वयर केले, जाची नोंद व्हिडिओंत जाल्या.

श्री. संजीत रोड्रिगीश हांणी 'वर्क ऑर्डरीची' प्रत लोकांनी पळोवं येता आनी आपूण अध्यक्षां कडेन ताची एक प्रत दवरतलों अशें सांगलें. प्रकल्पाचो खर्च 150 कोटी आसा, बँक गॅरंटी म्हूण रु. 14.5 कोटी आनी सुरक्षा निधी म्हूण 1.5 कोटी घेतले अशें तांणी सांगलें. ह्या खर अटींची पुर्तताय करपी कॉन्ट्रॅक्टरच गंभीरपणान हो वावर करूंक पावतलो, अशें तांणी सांगलें.

नोंद केल्ले इतिवृत्त लोकांक इंग्लीश आनी कोंकणीतल्यान वाचून दाखयले आनी ताचेर सुचोवण्यो घेवन त्यो मान्य जातकीच ताचेर श्री. जॉन्सन फर्नांडीस अतिरिक्त कलेक्टर-II आनी अतिरिक्त दंडाधिकारी (दक्षिण) आनी डॉ. मोहन गिरप, वैज्ञानीक 'सी', गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ हांणी निशाण्यो केल्यो.

हे भौशीक सुनावणेक वट्ट 403 जाण हाजीर आशिल्ले आनी तांणी वांगडा जोडिल्ल्या हाजेरीपटाचेर निशाणी केल्या.

भौशीक सुनावणे वेळार खंयचेंच लिखीत निवेदन प्राप्त जावंक ना.

आयज, 14 नोव्हेंबर, 2017 दिसा.

**(जॉन्सन फर्नांडीस)**
अतिरिक्त कलेक्टर-II आनी
अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी (दक्षिण)

**(डॉ. मोहन गिरप)**
वैज्ञानीक 'सी'
गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ